*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*<u>सरकारी पत्रक</u>*

**सायबर कॅफे मालकांनी अनवळखी गिरायकांक आपल्या सेवेचो वापर करपाक प्रतिबंद करपाचो आदेश**

ता. 10 डिसेंबर 2019

उत्तर गोंय जिल्लोधिकाऱ्यान सुरक्षेच्या कारणाखातीर एका आदेशावरवीं उत्तर गोंय वाठारांतल्या सगळ्यां सायबर कॅफे मालकांक आपल्या कडेन येवपी गिरायकांची वळख पटोवन तांची म्हायती रजिस्टरात नोंद करून दवरपाचो आदेश दिला. गिरायकाचे नाव, नामो, फोन नंबर आनी वळखपत्राची म्हायती रजिस्टरात नोंद करून गिरायकाची सय घेवची. अनवळखी मनशांक वळख सिध्द केले बगर सायबर कॅफे सुविधांचो वापर करपाक दिवचो न्हय. गिरायकांची वळख पटोवपा खातीर गिरायकाकडेन मतदार कार्ड, वाहन चलोवपाचो परवानो, स्मार्ट कार्ड, आधार कार्ड, पासपोर्ट ह्या सारख्या वळखपत्राची मागणी करची. अशी म्हायती स म्हयने तरी सांबाळून दवरपाक जाय. गिरायकाविशीं कसलोय दुबाव आयल्यार लागीच्या पुलीस स्टेशनार वा पुलीस नियंत्रण कक्षाक कळोवचे. त्याचप्रमाण सायबर कॅफे मालकांनी सायबर कॅफेच्या प्रवेश दाराचेर सीसीटीव्ही कॅमेरे बसोवचे.

हो आदेश 9 डिसेंबर 2019 सावन लागू जाला आनी मदी फाटी घेतलो ना जाल्यार 7 फेब्रुवारी 2020 मेरेन लागू उरतलो. ह्या आदेशाक पाळो न दिवप्यांचेर भारतीय दंड संहितेच्या कलम 188 खाला कारवाय जातली, अशें आदेशात म्हणला.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 843

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA